**काणकोणा जनता दरबार जालो**

ता. 9 ऑक्टोबर 2023

काणकोण तालुक्यात आयज जनता दरबार जालो. काणकोणच्या सरकारी उच्च माध्यमिक विद्यालयात आयोजीत जनता दरबारात नुस्तेमारी वेवसायमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर हांणी लोकांची गाराणीं आयकून घेतली.

जनता दरबारात उलयताना श्री. निळकंठ हळर्णकर हांणी लोकांक सुशासन दिवपाक आनी लोकांची जीण सुलभ करपा खातीर सरकार कटिबद्द आशिल्याचें सांगलें. लोकांच्या समस्यांचे निराकरण करप आनी लोकांक तांच्या दारामेरेन प्रशासन सेवा आनी सुविधा उपलब्ध करप, हो जनता दरबाराचो उद्देश आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें.

काणकोणच्या नीगरिकांनी मंत्र्यामुखार उदका पुरवण, शिंपणावळ, नुस्त्या मार्केट, रस्ते, ज्येश्ट नागरिकांक सुविधा अशों साबार समस्यां मांडल्यो. मंत्र्यान लोकांच्यो समस्यां आयकुन घेवन संबंदीत अधिकाऱ्यांक लोकांच्यो समस्यांकडेन लक्ष दिवन त्यो सोडोवपाचे आदेश दिले. मंत्र्यान लोकांक सरकारी येवजणो आनी सेवांचो लाव घेवपाचोय उलो हया वेळार मारलो.

जनता दरबाराक काणकोण नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री.रमाकांत नाईक गावकर, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री.दीपक देसाय, उपजिल्हाधिकारी श्री.रमेश गावकर आनी संबंदीत खात्यांचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/785

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.